# गोंय विधीकार मंचान विधीकार दिस मनयलो

ता. 9 जानेवारी 2018
19 पौष 1939

गोंय विधीकार मंचान आयज पर्वरी विधानसभा सचिवालयात विधीकार दीस मनयलो. कार्यक्रमाक आजी-माजी आमदार, खासदार हजर आशिल्ले.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. प्रमोद सावंत हांणी विधीकार दीस कार्यक्रमास उलयताना सांगलें. प्रत्येक वर्सा गोंयात 9 जानेवारीक विधीकार दीस मनयतात. 1964 वर्सा 9 जानेवारीक पयली विधानसभा जाली. हो दीस सगळे आदले तशेंच आताच्या विधीकार वांगडयांखातीर म्हत्वाचो आसा. आजी-माजी विधीकार वांगडयांनी गोंयच्या सामाजिक प्रस्नांत लक्ष घालपाचे आनी राज्याच्या विकास प्रक्रीयेत वाटो घेवपाचो उलो मारलो.

हया वेळार पयल्या गोंय विधानसभेचे आदले ज्येश्ठ आमदार श्री. तिओतिनो पेरेरा आनी श्री. अच्युत उजगांवकर हांचो सत्कार केलो.

कायदोमंत्री श्री. फ्रांसिस डिसौझा हांणी लोकशाय वेवस्थेच्या कायद्यांविशी उलयताना खास करून भुरग्यांचे हक्क, भुरग्यांचेर जावपी अत्याचार आनी गुन्यांवांच्या प्रस्नांचेर चड लक्ष दिवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

विरोधी नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी आदले आमदार, खासदारांनी राज्याच्या विकासाक दिल्ल्या योगदानाची प्रशंसा करून विधीकार मंचान ज्येश्ठ आमदारांचो सत्कार केल्लेखातीर अभिनंदन केले.

उपसभापती श्री. मायकल लोबो हांणी गोंयची वेगळी वळख राखपाखातीर आदल्या आमदारांनी केल्ल्या योगदानाची प्रशंसा करून आयच्या आमदारानी गोंयच्या हिताचे प्रस्न मांडपाक फुडें येवपाक सांगले.

सुरवेक मंचाचे सचिव श्री. मोहन आमशेकर हांणी नियाळ वाचलो. भांडारी श्री. सदानंद मळीक हांणी 2016-17 वर्साचो ऑडीट रिपोर्ट वाचलो आनी श्री. विक्टर गोन्साल्विस हांणी निमणे उपकार मानले.